कोंकणी अकादेमीच्या साबार पुरस्कारांखातीर मागयल्यात अर्ज, शिफारशी

गोवा कोंकणी अकादेमीन २०१८, २०१९, २०२०, २०२१ ह्या चार वर्सांचे साहित्य- भाशा सेवा पुरस्कार दिवपाचे थारायला. ह्या पुरस्कारां खातीर अर्ज तशेंच शिफारशी मागयल्यात. 'कोंकणी साहित्य पुरस्कार' आनी 'कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार' अशा दोन गटांत हे पुरस्कार भेटयतले. पयल्या गटांत सर्वोत्कृष्ट साहित्य / ग्रंथ हांचे खातीर वट्ट आठ पुरस्कार आसात. कविता, कथा/कादंबरी, नाट्यलेखन, निबंद/प्रवासवर्णन, संशोधन / शास्त्रीय, समीक्षा, बालसाहित्य आनी अणकार अशा साहित्य प्रकारांत हे पुरस्कार दितले.

चार वर्सांखातीर भेटोवपा येवपी ह्या पुरस्कारांचो कालावधी दर वर्साच्या आदल्या तीन वर्सांचो आसतलो तो असो : २०१८ वर्सा खातीर १ जानेवारी २०१५ ते ३१ डिसेंबर २०१७, २०१९ वर्सा खातीर १ जानेवारी २०१६ ते ३१ डिसेंबर २०१८, २०२० वर्सा खातीर १ जानेवारी २०१७ ते ३१ डिसेंबर २०१९, २०२१ वर्सा खातीर १ जानेवारी २०१८ ते ३१ डिसेंबर २०२० विचारांत घेतले.

ह्या दरेकी पुरस्काराची रक्कम रू. २५,०००/- आसा. तशेंच ह्या गटांत गोंयांभायल्या कोंकणी लेखका खातीर रू. २५०००/- चो साहित्य/ग्रंथ पुरस्काररूय अकादेमी दितली. ताचे नेम आनी अटी सर्वोत्कृश्ट साहित्य / ग्रंथ पुरस्कारांक आसात तश्योच आसात, मात तो खंयच्याय एकाच साहित्य प्रकाराक दिवप जातलो. ह्या गटांतूच 'साहित्य प्रतिभा पुरस्कार' आनी 'साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार' अशे दरेकी ५०,०००/- रूपयांचे दोन पुरस्कार साहित्य आनी संशोधनाच्या मळांचेर, लक्षणीय वावर केल्ल्या ५०वर्सा वयल्या पिरायेच्या व्यक्तीक भेटयतले. हे जीवन गौरव पुरस्कार आसात.

कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार ह्या गटांत, अकादेमी युवा चैतन्य पुरस्कार, कोंकणी प्रसार माध्यम कला - कौशल्य पुरस्कार, शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ शानभाग पुरस्कार, कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, कोंकणी कला सेवा पुरस्कार, कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार अशें पुरस्कार दितली.

युवा चैतन्य पुरस्कार रू. २५,०००/- चो आसा. कोंकणी भाशेच्या मळार देखदिणो वावर केल्ल्या, ४० वर्सा मेरेनच्या व्यक्तीक हो पुरस्कार दिलले. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, हे पुरस्कार कोंकणी भाशेच्याच विकासाखातीर साबार मळांनी मोलादीक योगदान दिल्ल्या, ५० वर्सांपरस चड पिरायेच्या कोंकणी कार्यकर्त्याक दितले. ताची रक्कम रु. ५०,०००/- आसा. हे जीवन गौरव पुरस्कार आसात. तशेंच कोंकणी भाशेखातीर मोलादीक कार्य केल्ले संस्थे खातीर रू. ५०,०००/- चो 'कोंकणी भाशा सेवा संस्था पुरस्कार' अकादेमी दितली.

कोंकणी प्रसार माध्यम कला - कौशल्य पुरस्कार आनी कोंकणी कला सेवा पुरस्कार, हे दोन खाशेले पुरस्काररूय अकादेमी भेटयतली. हांतुतल्या कोंकणी प्रसार-माध्यम, कला - कौशल्य पुरस्काराची रक्कम रू. २५,०००/- आसा. नेमाळीं, दिसाळीं अशा छापील माध्यमांतल्यान कोंकणींतल्यान लिखाण करपी तशेंच इलेक्ट्रॉनीक माध्यमांतल्यान आपलें कला कौशल्य दाखोवपी व्यक्ती खातीर हो पुरस्कार आसा. तर कोंकणी कला सेवा पुरस्कार हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा. कोंकणी लोकनाट्य, लोकसंगीत, संगीत निर्देशन, सिने नाट्य दिग्दर्शन, सिने - नाट्य अभिनय आदी कला क्षेत्रांत, पिरायेची पन्नाशी हुंपिल्ल्या आनी भौशीक जिणेंत मोलादीक योगदान दिल्ल्या, जेश्ट कलाकारा खातीर हो रु. ५०,०००/- पुरस्कार आसा.

रोख रक्कमे भायर सन्मानपत्र, मानचिन्न, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्कारांचे स्वरूप आसा. ह्या चार वर्साच्या साबार

पुरस्कारां खातीर पात्र व्यक्तींची शिफारस तशेंच अर्ज ता. ८/०१/२०२४ मेरेन अकादेमीच्या कार्यालयांत पावते करचे, अशें आवाहन अकादेमीन केलां.

अर्ज आनी नेमावळ पुस्तिका अकादेमीच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसात. इत्सुकांनी अकादेमीच्या, गोवा संचार भवन, ५ वो माळो बि.एस.एन.एल. पाटो प्लाझा, पणजेच्या कार्यालयांत, कार्यालयीन वेळांत येवन अर्जीपत्रां /शिफारस पत्रां व्हरू येता. तशेंच ह्या चारूय वर्साच्या पुरस्काराविशी खोलायेन माहिती दिवपी नेमावळ पुस्तिका, शिफारसपत्रां/अर्जीपत्रां अकादेमीचें Konkaniakademi.goa.gov.in व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.